आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरा

11.04.2026 @ 7.20 pm

मुखेल खबरो

- स्वतच्या भलायेकची कुयदात घेवन दुयेसापासत पयस रावप जण एकल्याच्या हातान आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.
- समाजसुधारक महात्मा ज्योतिबा फुलेक आयज देश तांच्या जयंतीनिमतान आज तांका आदरांजली अर्पण करता.
- गोंय काजु महोत्सवात goa Deposit refund scheme ही कोयराचो विलो लावपाखातीरची यंत्रणा सध्या सगळ्यांचे आकर्षण थारला.
- गोयात पेट्रोल, डिझेल आनी लिक्विफाइड पेट्रोलियम गॅस (एलपीजी) ची उपलब्धता सध्याची मागणी पुराय करपाक फावती आशील्याची पुष्टी राज्यातल्या तेल विपणन कंपन्यांनी केल्या.

स्वतच्या भलायेकची कुयदात घेवन दुयेसापासत पयस रावप जण एकल्याच्या हातान आसा. आता डायलेसिस, गोडे मुत, मानसिक विकार, तशेंच हेर दुयेसांचे प्रमाण वाडला. हे सगळे स्वतच्या भलेयकेकडेन आडनदर केल्यान जाला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. संसारीक होमियोपॅथी दिसाच्य कार्यावळीत ते उलयताले. होमियोपॅथी उपचार पद्दतीक खुप बरे दिस आसा. होमियोपॅथी दोतोरांनी preventive health check up दवाखाने उघडल्यार लोकांक ताचो तांची भलायकी निरोगी दवरपाक व्हड मजत जातली अशे मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला. Innovation, technology and research based हॅल्थकेअर सिस्टम चालीक लागपाक जाय अशे तांणी ह्यावेळार खास नमुद केले. **Byte- cm**

गोंयांत बेगीनुच आयुश खाते स्थापन करतले अशी म्हायती ह्यावेळरा मुखेलमंत्र्यान दिली. पर्यटन मळार वेलनेस टुरीझमाक आता खुप बरे दिस आयल्यात. सायड इफएक्ट विरयत भलयकीचे उपचाराक लोक आता प्रादान्य दितात. ताका लागुन आर्युवेदासयत होमियोपॅथीक लेगीत फुडारात भवितव्य आसा. गोंयच्या होमियोपॅथी शिक्षण घेतिल्ल्या दोतोरांनी फुडलो पदव्युत्तर अभ्यास करचो अशेय आवाहन तांणी ह्यावेळार केले. ही कार्यावळ साखळे रविंद्र भवनात गोवा होमियोपॅथी कांऊंसिल आनी गोवा कामाक्षी देवी होमियोपॅथी म्हाविद्यालयाच्या जोडपालवान घडोवन हाडील्ली.

गोंय काजु महोत्सवात सध्या goa Deposit refund scheme ही कोयराचो विलो लावपाखातीरची यंत्रणा सध्या सगळ्यांचे आकर्षण थारला. कोयर माखनान घालो काय पयशे मेळटा हे पळोवन बऱ्याश्या जाणानी हे विशी उत्सुकता दाखयल्या. महोत्सवाच्या परीसरात थाटील्लया ह्या दालनात कोयराचो विलो कितल्या सोप्या पध्दतीन जांवक शकता, आनी तातुंल्यान पयशे तर मेळटाच, मात पर्यावरण लेगीत नितळ उरता म्हण ह्या दालनाक भेट दिल्लया लोकानी

ह्यावेळार उलयतना प्रतिक्रिया दिल्या. गोंय सरकाराचें पर्यावरण आनी हवामान बदल खातें डीआरएस ही यंत्रणा चालीक लावपाचे आसा. पयल्या पावंड्यार सुरवेक गोंयची शारा आनी गावगिऱ्या वाठारात मेळुन 300 परस चड डी.आर.एस माखना चालीक लावपाचो प्रस्ताव सद्या सराकरान दवरला. कंवचेची बाटली, पीईटी, ॲल्युमिनियम आनी जैवविघटनशील नाशिल्ली पॅकेजीग सारखील्ल्या कोयराच विलो ह्या यंत्रणेवरवी लावपाची मोख पर्यावरण खात्यान दवरला. काजु महोत्सवात सध्या डी.आर.एस ची दोन माखना कोयराचो विल्हो कसो लायतले तांची प्रात्याक्षिका दाखोवपाक स्थापन केल्यात. हे खेरीज हेण्ड हेल्ड मशिनांचो लेगीत ह्या दालनात आसपाव आसा. कोयर माखनान घालो काय पाच मिनटांभितर कोयराची वर्गवारी केल्या मोलाप्रमाण पयशे थेट कोयराचो विलो लावपाक आयिल्लया मनसांच्या यु.पी.आय खात्यार जमा जाता. जाल्यार ही यंत्रणा ए. आय पद्धतीचो उपेग करुन चालीक लायल्या.

सध्या संवसारभर सेंद्रीय शेतकी उत्पादनांची मागणी वाडत आसा. गोंयांतलें ८० ते ९० टक्के काजू उत्पादन सेंद्रीय पद्दतीन जाता. हातूंत कसलेंच रसायन वापरनात. उत्पादकांनी हे संदीचो फायदो करुन घेवचो असो उलो सेंद्रीय काजू उत्पादक आग्नेल बार्रेटो हांणी केला. शेनवारा काजू महोत्सवांत जाल्ल्या तंत्रीक चर्चा सत्रांत ते उलयताले. ह्या वेळार शास्त्रज्ञ डॉ. ए आर देसाय, काजू उत्पादक विंदेश शिरोडकार, गोंय शेतकी महाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. सुरेश कुंकळकार हाजीर आशिल्लें. काजू महोत्सवाचे उक्तावण शुक्रारा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी जाले. फाटल्या कांय वर्सांत संवसारभर कॅन्सरा सारकिल्ले असंससर्गजन्य दुयेंसां वाडत आसात. पिकांत रसायनीक साऱ्यांचो चड वापर जाल्ल्यान अशें जावं येता. निरोगी जिणे पद्दतीक आनी पोशक अन्नधान्याक संवसारभर प्राधान्य दितात. गोंयांतल्या सेंद्रीय काजू शेतकारांनी हाचो लाव घेवचो. तांणी आपल्या सेंद्रीय काजूची योग्य पध्दतीन मार्केटिंग केल्यार तांकां अर्थीक फायदो मेळटलो, अशें बार्रेटो हांणी सांगलें. सरकारान सेंद्रीय शेती कडेन वचपा खातीर धोरणां तयार करचीं. सेंद्रीय उत्पादनांक चड दर मेळपाक जाय, अशे डॉ. सुरेश कुंकळकार हांणी सांगलें.

समाजसुधारक आनी कार्यकर्ते महात्मा ज्योतिबा फुलेच्या जयंतीनिमित्त देश तांका आज आदरांजली अर्पण करता. १८२७त याच दिसा जन्मल्या महात्मा फुलेनी आपली घरकान सावित्री फुले यांच्यासयत बायलाचे शिक्षण आणि सक्षमीकरणाक लडो दिलो, तशेच जातीय व्यवस्था आणि अस्पृश्यता निर्मूलना खातीरय ती झुजली, राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आणि प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी आज संसदेतल्या प्रेरणा स्थळ हांगा महात्मा ज्योतिराव फुलेच्या जयंती निमित्त त्यांना आदरांजली ओपली.

केंद्र सरकाराच्या ‘जल शक्ती अभियानाच्या ‘केच द रेन’ मोहिमेखाला राज्य शिक्षण संचालनालयान राज्यांतल्या सगळ्या सरकारी आनी अनुदानीत मुळाव्या, माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांनी 16 एप्रिल ते 30 एप्रिल, 2026 मेरेन ‘जल पखवाडा’ म्हळयार उदक पंदरस कार्यावळी आयोजित केल्यात. उदका संवर्धन, पावसाच्या उदकाचें वेवस्थापन

आनी उदक आडावपा विशीं विद्यार्थ्यां मदीं जागृताय करप हो हे मोहिमेचो मुखेल हेत आसा. ह्या निमतान जावपी मुखेल कार्यावळी अशो असात. जल शपथ: सगले विद्यार्थी आनी शिक्षक 16 एप्रीलाच्या पयल्या दिसा आनी उपरांत दर दिसा सकाळीं उदक सांबाळपाचो सोपूत घेतले. शाळा वेवस्थापन समिती (एसएमसी) आनी पालक-शिक्षक संघटना (पीटीए) हांची बसका 18 ते 20 एप्रील मेरेन जातल्यो आनी उदक संवर्धनाचे म्हत्व उक्तें करतले. निबंद, उलोवप सर्त , चित्रकला, क्विझ आनी मॉडेल मेकिंग सारकिल्ल्यो सर्ती घडोवन हाडटले. विद्यार्थी 'जलदूत' म्हूण वावुरतले आनी शाळेच्या लागसारच्या लोकांक उदक संवर्धनाविशीं जागृताय करपा खातीर रॅली वा मोहीम काडटले. ह्या कार्यावळींचे फोटो आनी व्हिडियो दर दिसा दनपारां 1:00 वरां मेरेन संबंदीत तालुक्याच्या ब्लॉक संसाधन केंद्राक (बीआरसी) धाडचे अशें सगळ्या शाळा मुखेल्यांक निर्देश दिल्यात. हे मोहिमेचो  निमाणो कृती अहवाल 31 मे 2026 मेरेन सादर करात अशे शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी सांगला.

बायलां आनी चलयांक उर्बा दिवपाखातीर पर्वरी रायजिंग ट्रस्ट -पेन्हा द फ्रांसा, साल्वादोर दो मुंडो, आनी सुकुर हय तीन पंचायतील्या बायलांखातीर 3 मे दिसा खासा- बायलांच्या खेळांचे आयोजन केला. ह्या सर्तींत. 18 ते 75+ वर्सां मेरेन वेगवेगळ्या गटांत सर्ती जातल्यो. बायलां आनी चलयो चडांत चड खेळांत वांटो घेवपाच्या हेतान गांव पातळेचेर ही कार्यावळ घडोवन हाडटात. खेळां वरवीं बायलांक सशक्त करप, तांचो आत्मविस्वास वाडोवप आनी फुडारपणाच्या गूणांक चालना दिवप हो ह्या उपक्रमाचो मुखेल हेत अशें पर्वरी भाजप महिला मोर्चाची अध्यक्ष उज्वला मांद्रेकार हांणी सांगलें. ह्या सर्तींनी चमचो-लिंबू, 100 मीटर धांवप, लंगडी, बॉल फेकप, सुयो-धागो, 20 मीटर दोरी सर्त, संगीत खुर्ची आनी 200 मीटर चलप हांचो आस्पाव आसा.

गोयात पेट्रोल, डिझेल आणि लिक्विफाइड पेट्रोलियम गॅस (एलपीजी) ची उपलब्धता सध्याची मागणी पुराय करपाक फावती आशील्याची पुष्टी राज्यातल्या तेल विपणन कंपन्यांनी केल्या. या संदर्भात 10 एप्रिलाक  प्रकाशित केल्या प्रसिद्धी पत्रकात, भौशीक क्षेत्रातल्या तेल विपणन कंपन्यांचे राज्यस्तरीय समन्वयक मधुरेंद्र के. पांडे हाणी ही माहिती दिली. ह्यो कंपनयो पुरवठ्याच्या परिस्थितीर लक्ष दवरून आसात आनी लॉजिस्टिक्स सुरळीत करपाक आनी वितरणाक गती दिवपाक पावला उखलल्यात अशे ताणी सांगले.

9 व्या राष्ट्रीय शालेय खेळां सर्तींखातीर गोंय राज्याच्या 17 वर्सं सकयल्या चले आनी चलयांचो क्रिकेट पंगड निवडपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान निवड चाचणीचे आयोजन केला.

भारतीय हवामान विभागान आज कोकण, गोवा, ओडिशा, तामिळनाडू, पुदुचेरी आणि कराईकलात उष्ण आणि दमट हवामान उरपाची शक्यता आसा, तर फाल्या मेरेन ओडिशा, दर्यादेग आंध्र प्रदेश आणि  कर्नाटकात अशीच परिस्थिती आसु येता अशे म्हणला. पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयात कमाल तापमान ३५.४ डिग्री  celcius जाल्यार  किमान तापमान २५ डिग्री celcius नोंद जाला

आता परतून एक फावट काय मुखेल खबरो

- स्वतच्या भलायेकची कुयदात घेवन दुयेसापासत पयस रावप जण एकल्याच्या हातान आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.
- समाजसुधारक महात्मा ज्योतिबा फुलेक आयज देश तांच्या जयंतीनिमतान आज तांका आदरांजली अर्पण करता.
- गोंय काजु महोत्सवात goa Deposit refund scheme ही कोयराचो विलो लावपाखातीरची यंत्रणा सध्या सगळ्यांचे आकर्षण थारला.
- गोयात पेट्रोल, डिझेल आनी लिक्विफाइड पेट्रोलियम गॅस (एलपीजी) ची उपलब्धता सध्याची मागणी पुराय करपाक फावती आशील्याची पुष्टी राज्यातल्या तेल विपणन कंपन्यांनी केल्या.
- आनी इतल्यान ह्यो प्रदिशिक खबरो सोपल्यो आमच्यो मुखावेल्यो प्रादेशिक खबरो आयकात फाल्या सकाळी ७ वरा २५ मिनटाचेर नमस्कार